Panaji National 9th August 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजणेच्या गिरायकां खातीर 2025-26 वर्सा खातीर लक्ष्यित अनुदान चालू दवरपाक सरकारान मान्यताय दिल्या आनी हाजेर 12 हजार कोटी रुपयां परस चड खर्च येतलो.

- देशातल्या सुमार २७५ सरकारी आणि सरकारी अनुदानित तांत्रिक संस्थांक तांत्रिक शिक्षणाची गुणवत्ता सुधारपा खातीर चार हजार २०० कोटी रुपयांचे अर्थसंकल्पीय सहाय्य मेळटले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांचे कडेन सविस्तर चर्चा केली.

- भावा-भयणींच्या खाशेल्या बंधनाचो सण म्हळ्यार रक्षाबंधन आयज देशभर मनयतात.

- 19 वर्सां सकयल्या आशियाई बॉक्सिंग चॅम्पियनशिपांत आयज 10 भारतीय मुष्टियुध्दपटू भांगरा पदका खातीर खेळतले.

Cabinet – 200

प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजणेच्या गिरायकां खातीर 2025-26 वर्सा खातीर लक्ष्यित अनुदान चालू दवरपाक सरकारान मान्यताय दिल्या आनी हाजेर 12 हजार कोटी रुपयां परस चड खर्च येतलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला काल जाल्ले मंत्रीमंडळ बसकेंत हो निर्णय घेतला. हे येवजणेचो 10 कोटी 33 लाखां परस चड कुटुंबांक फायदो जाला अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लींत मंत्रीमंडळाच्या निर्णया विशीं मिडियाक म्हायती दितना सांगलें. वर्साक णव रिफिल मेरेन दर 14.2 किलो सिलिंडराक 300 रुपया इतले लक्ष्यित अनुदान सरकार दितलें. तशेंच IOCL, BPCL आनी HPCL ह्या तीन भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल विपणन कंपन्यांक 30 हजार कोटी रुपयांची भरपाय दिवपाक सरकारान मान्यताय दिल्या.

तंत्रशिक्षणात बहुविषयी शिक्षण आणि संशोधन सुधारणा येवजनेखातीर 4200 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पीय सहाय्याक केंद्रीय सरकारान मान्यताय दिल्या अशीय म्हायती वैष्णव हांणी दिली. तंत्रीक शिक्षणांत दर्जो, समता आनी शासन सुदारप हो येवजणेचो हेत आसा अशें तांणी सांगलें. ह्या येवजने अंतर्गत सुमारे २७५ सरकारी आणि सरकारी अनुदानित तांत्रिक संस्थांची निवड करून आदार दिवपाची अपेक्षा आसा.

तमिळनाडूंत फोर लेन मरक्कनम-पुडुचेरी म्हामार्ग बांदपाकय सरकारान मान्यताय दिल्या अशी म्हायती वैष्णव हाणी दिली. ह्या प्रकल्पा खातीर वट्ट 2,157 कोटी रुपया खर्च जातलो अशें तांणी सांगलें. ह्या प्रकल्पाक लागून सद्याच्या कॉरिडोरांत गर्दी उणी जातली आनी चेन्नय, पुडुचेरी, विलुप्पुरम, नागापट्टीनम ह्या नेटान वाडपी शारांची गतिशीलता संबंधी गरजो पुराय जातल्यो अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

PM Putin – 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांचे कडेन सविस्तर चर्चा केली. पुतीन हाणी प्रधानमंत्री मोदी हांका युक्रेन संबंधित ताज्या घडामोडींची म्हायती दिली. प्रधानमंत्री मोदी हाणी राष्ट्राध्यक्ष पुतिन हांच्या सविस्तर मूल्यांकनाबद्दल तांचे उपकार मानले आणि संघर्षाच्या शांततापूर्ण निराकरणाखातीर भारताच्या दृढ संकल्पचो पुनरुच्चार केलो. मोदी हांणी ह्या वर्साच्या अखेरेक जावपी 23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर परिषदे खातीर राष्ट्राध्यक्ष पुतीन हांका भारत भेटीचे आमंत्रण दिले.

Maan ki baat – 80

आतां मेरेन आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींतल्यान 34 कोटी रुपयां परस चड येणावळ मेळ्ळ्या. म्हायती आनी

प्रसारण राज्यमंत्री डॉ एल मुरुगन हांणी काल राज्यसभेंत ही म्हायती दिली. ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळी वरवीं प्रधानमंत्र्यानि  शिक्षण, भलायकी, पर्यावरण, नवनिर्माण आनी समाजसेवेच्या मळार गुंतील्ल्या भारतीय नागरिकांची प्रेरणादायक कथा सांगल्यात अशें तांणी सांगलें. देशभरांतले लोक व्हड प्रमाणांत मन की बात आयकतात अशें मुरुगन हांणी सांगलें. युट्युब आनी ओटीटी सयत डिजिटल प्लॅटफॉर्मांचेरूय मन की बात आयकुपी लोकांचो आंकडो वाडला अशी म्हायती तांणी दिली.

Railway – 130

भारतीय रेल्वे 720 कोटी परस चड प्रवाशांक परवडपी येरादारी सेवा दिता आनी ताचे भाडें संवसारांत सगळ्यांत उणें आसा अशें केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. काल राज्यसभेत एका प्रश्नाच्या लेखी जापेत वैष्णव हांणी सांगलें की, 2023 - 24 वित्तीय वर्सा प्रवाशांच्या प्रवासाचेर दिल्ले वट्ट अनुदानाची रक्कम 60 हजार चारशें 66 कोटी रुपयां आसा. भारतीय रेल्वे समाजांतल्या सगळ्या घटकांक परवडपी, बऱ्या दर्जाची सेवा दिवपाचेर लक्ष केंद्रीत करता अशें वैष्णव हांणी सांगलें. रेल्वेन semi-high speed वंदे भारत गाडयो सुरू केल्यात अशें तांणी सांगलें. प्रवाशांक चड बरो प्रवास अणभव आनी सुदारीत सुरक्षीतताय दिवप हो ताचो हेत आसा. ह्यो सेवा प्रगत सुरक्षा वैशिष्ट्यांनी आणि आधुनिक प्रवासी

सुविधांनी सुसज्ज आसा. सध्या भारतीय रेल्वेच्या ब्रॉडगेज इलेक्ट्रिक नेटवर्कचेर 144 वंदे भारत रेल्वे सेवा चालू आसात.

Rakshabandhan – 70

भावा-भयणींच्या खाशेल्या बंधनाचो सण म्हळ्यार रक्षाबंधन आयज देशभर मनयतात.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी देशवासियांक रक्षाबंधनाच्यो शुभेच्छा दिल्या. रक्षाबंधनाचो पवित्र सण हो भाव-भयणीं मदल्या मोग आनी विश्वासाच्या अद्वितीय बंधनाचे प्रतीक अशें राष्ट्रपतीनि आपल्या संदेशांत म्हळां. राष्ट्रपती मुर्मू हाणी नमूद केले की हो सण भारताचो समृद्ध सांस्कृतिक वारसो आनी नैतीक मुल्यां सांबाळपाचीय संद आसा आणि महिलांच्या हक्कांचे रक्षण करपाचो आनी तांचो आदर करपाचो दरेकल्याचो दृढनिश्चय बळकट करता.
Mah har ghar tiranga – 50
स्वातंत्र्य दिसा आदि देशभक्ती आनी नितळसाण हांचो मेळ घालून 'हर घर तिरंगा - हर घर स्वच्छता' ही मोहीम महाराष्ट्रान सुरू केल्या. पनवेलांतल्या नगरपालिका संस्थां सावन हिंगोली, धुळे, जलना आनी भंडारा हांगाच्या गांवगिऱ्या पंचायती मेरेन अधिकारी तिरंगी प्रतिज्ञापत्र, नितळसाण मोहीम आनी भौशीक जागृताय कार्यावळी सयत जायत्या उपक्रमांचें फुडारपण करतात.
Ladakh – 55

लद्दाखांत “हर घर तिरंगा - हर घर स्वच्छता: स्वतंत्रता का उत्सव, स्वच्छता के संग” ह्या थीम अंतर्गत काल ज़ंस्कारांत खाशेली नितळसाण आनी जागृताय मोहीम सुरू जाली. ज़ंस्कारचे उपविभागीय दंडाधिकारी मोहम्मद हसन हांणी पांचवो बावतो दाखोवन ह्या कार्यावळीचें उक्तावण केलें.

Gadkari – 65

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी भारताचो लॉजिस्टिकस खर्च अंदू वर्साच्या अखेर मेरेन उणो जावन 9 टक्के इतलो जातलो असो विस्वास उक्तायला. काल नवी दिल्लींत खाजगी खबरां चॅनलान आयोजीत केल्ले परिशदेंत उलयतना गडकरी हांणी देशांतल्या रस्त्यांच्या मुळाव्या साधनसुविधां मदीं जाल्ल्या म्हत्वाच्या सुदारणाक लागून हो खर्च उणो जातलो अशें सांगलें. रसद खर्चांत जाल्ल्या ह्या उणावक लागून देशाच्या निर्यात क्षेत्राक व्हड उर्बा मेळटली अशें गडकरी हांणी सांगलें.

BYTE

तियात्राक युनेस्को 50

तियात्राक युनेस्कोच्या संवसारीक दायजाचो टॅग मेळोवपा खातीर सरकार वावुरतले अशें सीएम प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक आश्वासन दिलें. आमदार अलेक्सियो लोरेन्सो हाणें मांडल्ल्या खाजगी थारावांत, तियात्राक-गोंयची गिरेस्त आनी गतिशील नाट्य परंपरा-भारतीय संस्कृतीक अभिव्यक्तीचो एक म्हत्वाचो प्रकार म्हूण

औपचारीकपणान मान्यताय दिवपाची गरज आसा आनी ताका अधिकृतपणान मान्यताय मेळपाक जाय असो भर दिल्लो.

Aadhar – 70

फाटल्या म्हयन्यांत, आधार फेस ऑथेंटिकेशन वरवीं १९ कोटी ३६ लाख व्यवहारांची नोंद जाल्या. जून महन्याच्या तुळेंत ही वाढ २२ टक्के आशिल्ल्याचे दिसून येता. इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान सांगले, जुलै महिन्यात फेस ऑथेंटिकेश वरवीं आतापमेरेनचे सगळ्यांत चड १ कोटी २२ लाख मायज व्यवहार एकाच दिसा जाले.

IMD – 80

हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या 2-3 दिसांत आंध्र प्रदेश, बिहार, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आनी काश्मीर, मध्य प्रदेश, ओडिशा, अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगना, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंडात खूब पावस पडूं येता. आयच्यान 14 ऑगस्ट मेरेन बिहार, जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाख हांगा जायत्या सुवातींनी गडगड आनी जोगला मारपा सयत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

मजगतीं, राष्ट्रीय राजधानीच्या जायत्या वाठारांनी आयज सकाळीं व्हड प्रमाणांत पावस पडलो.

## Sports –

19 वर्सां सकयल्या आशियाई बॉक्सिंग चॅम्पियनशिपांत आयज आपापल्या उपांत्य फेरयेंत जैत मेळोवन बँकॉकांत सात बायलां सयत 10 भारतीय मुष्टियुध्दपटू भांगरा पदका खातीर झुजतले.